२९.०४.२०२६, सकाळी ८.४०

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेशांत 594 किलोमीटर लांबायेच्या गंगा एक्सप्रेस मार्गाचें उक्तावण करतले.

सिक्किमांत जोडणी आनी मुळावी बांदावळ सुदारपाक सरकारान सगळ्यांत चड प्राधान्य दिलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री एन. एन. चंद्रबाबू नायडू हांच्यासयत काल विशाखापट्टणमांत गूगल क्लाउड इंडिया ए आय हबचो बुनियादी फातर बसयलो.

अस्तंत बंगालांत आयज दुस-या आनी निमण्या पावंड्यार विधानसभा वेंचणूक जातली. सकाळीं 7 वरांचेर सुरू जावपी मतदान सांजे 6 मेरेन चालू आसतलें.

संयुक्त अरब अमीरातांनी 1 मे सावन पेट्रोलियम निर्यात करपी देश संघटना (ओपेक) सोडपाचें थारायलां.

देशाची पुराय आयपी क्षमता मुखार हाडपा खातीर नवनिर्माण आनी बौध्दिक संपदा (आयपी) हि हातांत हात घालून फुडें वचूंक जाय, अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या हरदोई शारांत 12 जिल्हयांतल्यान मेरठ आनी प्रयागराज जोडपी 594 किलोमीटर लांबायेच्या गंगा एक्सप्रेस मार्गाचें उक्तावण करतले. श्री मोदी ह्या निमतान कार्यावळीक संबोधीत करतले. 36 हजार 230 कोटी रुपयांच्या खर्चान बांदिल्ल्या स लेन गंगा एक्सप्रेस मार्गाक लागून दोनूय शारां मदलो प्रवास वेळ सुमार अर्द्यान उणो जातलो. मेरठांतल्या बिजौली गांवसावन प्रयागराजांतल्या जुदापूर डांडू मेरेन 594 किलोमीटर लांबायेचो हो एक्सप्रेसवे 12 जिल्हयांतल्यान वचून अस्तंत, मध्य आनी उदेंत उत्तर प्रदेशाक जोडटा. उत्तर प्रदेश एक्सप्रेसवे उद्देगीक उदरगत प्राधिकरणान (यूपीईडीए) विकसीत केल्लो हो स लेन प्रवेश नियंत्रीत मार्ग वराक 120 किलोमीटर मेरेन गती मेळोवपा खातीर तयार केल्लो आसा. ताका लागून प्रवासी आनी म्हालवाहतूक हालचाल खूब वाडटली, तेच बरोबर राज्याक राष्ट्रीय राजधानी कडेन थेट जोडणी मेळटली अशी आस्त आसा.

सिक्किमांत जोडणी आनी मुळावी बांदावळ सुदारपाक सरकारान सगळ्यांत चड प्राधान्य दिलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री सिक्किम राज्याच्या 50व्या स्थापणूक दिसानिमतान आयोजीत कार्यावळींत उलयताले. तांणी सिक्किम हें उदेंतेचो स्वर्ग अशें वर्णन केलें.

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री एन. एन. चंद्रबाबू नायडू हांच्यासयत काल विशाखापट्टणमांत गूगल क्लाउड इंडिया ए आय हब चो बुनियादी फातर बसयलो. देश व्हड प्रमाणांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन, प्रगत चिप डिझायन, आनी कृत्रिम बुद्धिमत्ता तंत्रगिन्यानाच्या मळार मुखार वता अशे ह्या निमतान मेळाव्याक संबोधीत करतना केंद्रीय मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.

भारतान आपल्या नागरिकांक सुरक्षीत, आनी सोयीस्कर प्रवासाचो अणभव दिवपा खातीर आपली येरादारी वेवस्था जागतीक दर्जा प्रमाण तयार करची पडटली अशे रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत बसवॉर्ड

इंडिया कॉन्क्लेव्ह 2026 कार्यावळीक ते संबोधीत करताले. देशांतल्या येरादारी वाठाराचे लक्ष आतां फकत खर्चा मेरेन मर्यादीत ना, पूण दर्जेदार आनी सोयीचे वटेन मुखार सरला. देशभरांतल्या उच्च दर्ज्याच्या म्हामार्गांच्या विकासाक लागून प्रवासाचो वेळ खूब उणो जाला आनी जोडणी सुदारल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें.

अस्तंत बंगालांत आयज दुस-या आनी निमण्या पावंड्यार विधानसभा वेंचणूक जातली. सकाळीं 7 वरांचेर सुरू जावपी मतदान सांजे 6 मेरेन चालू आसतलें. दुसर् या टप्प्यांत मतदान करपी विधानसभा विभागांत उत्तर कोलकाता, दक्षिण कोलकाता, हावड़ा, नादिया, उत्तर 24 परगना, दक्षिण 24 परगना, हुगली आनी पुरबा बार्धमान अशा आठ वेंचणूक जिल्ह्यांचो आस्पाव जाता. ह्या पावंड्यार वट्ट 1,448 उमेदवार 142 विधानसभा सुवातांखातीर लढतले. 3.22 कोटी वयर मतदार मतदान करपाक पात्र आसात. तातूंतले 4.12 लाखां वयर लोक 18 ते 19 वर्सां पिराय गटांतले पयलेच खेपे मतदार आसात. सुमार 3200 मतदार 100 वर्सां आनी ताचेवयल्या पिरायेचे आसात. वेंचणूक आयोगान मुक्त आनी नितळ मतदान घडोवन हाडपाखातीर विस्तारान वेवस्था केल्या. मतदानाच्या वेळार कायदो आनी सुवेवस्था सुनिश्चीत करपा खातीर केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या सुमार 2,500 कंपनीं वांगडाच 6 हजारां वयर जलद प्रतिसाद पंगड तैनात केल्यात. वेंचणुकेचे प्रक्रियेंत कसलेच अडचणी येवचे न्हय हे खातीर खर निरिक्षण आनी रॅपिड रिस्पॉन्स प्रणाली सक्रिय केल्यात. मतदानाचेर नदर दवरपा खातीर दरेका मतदान केंद्राचेर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसयल्यात.

संयुक्त अरब अमीरातांनी 1 मे सावन पेट्रोलियम निर्यात करपी देश संघटना (ओपेक) सोडपाचें थारायलां. इराण झुजाक लागून अपूर्व उर्जा संकश्टाक लागून आखाती राश्ट्रांमदीं मतभेद उक्ते जाल्ल्यान युएईचो हो निर्णय तेल उत्पादक गटाक एक धपको म्हणून आयला. युएई - ह्या गटाचो एक व्हड उत्पादक - भायर सरल्यार संवसारीक तेल पुरवणीचेर ओपेकाचें नियंत्रण दुबळें जाता आनी युएई आनी शेजारी साउदी अरेबिया हांचे मदीं फूट वाडटा. तशेंच आखातांतल्यान निर्यात परतून सुरू जातकच

युएईक उत्पादन वाडोवपाक मेकळीक मेळूं येता कारण आतां ताचेर ओपेक कोटा प्रमाण चलचें ना.

देशाची पुराय आयपी क्षमता मुखार हाडपा खातीर नवनिर्माण आनी बौध्दिक संपदा (आयपी) हि हातांत हात घालून फुडें वचूंक जाय, अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. मंत्री गोयल हाणी दरेक नवी कल्पना, संरक्षित संपदेत रुपांतरीत करपाचो उलो मारला. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या संवसारीक बौध्दिक संपत्ती दिस 2026 च्या समारोप अधिवेशनांत संबोधन करतना, मंत्री गोयल हांणी नवनिर्माण करपी, विद्यार्थी आनी भागधारकांक पेटंट, ट्रेडमार्क आनी हेर आयपी साधनां वरवीं आपले विचार सक्रियपणान नोंद करपाक सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर उदेंत वाठारांत व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हिमाचल प्रदेश, पंजाब, चंडीगढ, हरियाणा, दिल्ली, उत्तराखंड, बिहार, झारखंडांतय आयज गडगडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडले दोन दीस छत्तीसगढ, उत्तर प्रदेश, आंतरीक कर्नाटक, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, केरळ, माहे, मध्य प्रदेश, आनी विदर्भ हांचेर वादळी वा-यासयत जोगला मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर

आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

आयपीएल क्रिकेट खेळांत काल रातीं न्यू चंडीगढांत राजस्थान रॉयल्सान पंजाब किंग्साक 6 विकेटींनी हारयलो. पंजाब किंग्सान थारायिल्ल्या 223 धांवड्यांच्या लक्ष्याची मोख गाठतना राजस्थान रॉयल्सान 19.2 ओव्हरींनी 4 गडे वगडावन 228 धांवड्यो केल्यो.